## रामकृष्ण म्हादेव साळगांवकर उच्च माध्यमिक विद्यालय
### कोंब मडगांव - गोंय

## SECOND QUARTERLY TEST FEB-2022

यत्ताः अकरावी　　विशयः कोंकणी　　वेळ : १ वर

तारीखः २६.०२.२०२२　　गूणः २०

---

सुचवण्योः
१. दरेका प्रस्नाची जाप नव्यां पानार सुरु करची .
२. प्रस्न आनी उप प्रस्नाचे आंकडे स्पश्ट बरोवचे.
३. सगले प्रस्न बरोवप गरजेचे .
४ .उजवे वटेन बरयिल्ले आंकडे वट्ट गूण धरचे

---

प्र.१.अ . सकयल दिल्ल्या खंयच्याय एका विधानाचे संदर्भासयत स्पश्टीकरण बरयात : ५

क. "म्हाका मरे,तूं आमच्या पुडलिक नायका सारको दिसलो ".

ख. " हांगा एक फूल परमळटा म्हूण आयकला."

आ. सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो सुमार आठ ते धा उतरांनी बरयातः २

क. रेल्वेचो प्रवास चड अणभवसंपन्न आसता अशें लेखक कित्याक म्हणटा?

ख. म्हणीची व्याख्या बरयात.

प्र.२.अ. सकयल दिल्ल्या प्रस्नाची जाप सुमार ४० ते ४५ उतरांनी बरयात : ३

क. गोंयकारांचो सभाव आनी गूण 'व्हडवीक' कवितेंतल्यान कसो उक्तायला?

प्र.३ अ. सकयल दिल्ल्या खंयच्याय तीन ओपारींचे अर्थ बरयात. ३

क. काडली जीब लायली ताळयाक

ख. सवाय खाण पोटफुगे

ग. उमथ्या कळशार उदक

घ. नाचूंक कळना जाल्यार आंगण वांकडे

आ. सकयल कंवसांत दिल्ल्या क्रियापदांचे फावो ते रुप रित्या सुवातीनी घालून ओळी पुराय करुन बरयात. २

(दिवप,घुमप,रिगप,वाजप,रोमप, गाजप)

एक ल्हानशी म्हण मनांत……,काळजांत …… ,कानांत …… आनी जिविताक नकळत आकार ……

प्र.४. तुमी निवीज/निवीजा गाड, अमृत प्लाजा, अंबाजी मडगांव हया नाम्यार रावतात अशें समजून सकयल जायरातींत दिल्ल्या पदाखातीर अर्ज बरयात. ५

जायरात

गरज आसा

वार्ताहर (Reporter)

शिक्षणीक पात्रताय : बारावी पास

संगणकाचें गिन्यान गरजेचें.

कोंकणी,इंग्लीश,हिंदी मराठी भाशेचे गिन्यान गरजेचे.

अणभवः उण्यांत उणें १ वर्स

पुराय म्हायती सयत अर्ज करात

सपर्कः संपादक
भांगरभूंय
पणजी गोंय